गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 05, वर्स 2026**

**08. 05. 2026 दिसा प्रकाशीत जाल्या**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22.05.2026 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांची अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22.06.2026 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.**

## 1.पर्यावरण आनी हवामान बदल खातें

1. शास्त्रीय अधिकारी, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं (Scientific Officer, by Transfer on Deputation) ........ 2 पदां (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: टप्पो -7

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: राज्य सरकार / भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम/ स्वायत्त संस्था/ म्हामंडळ /वैधानीक संस्थे अंतर्गत नेमान अधिकृत पद धारण करपी अधिकारी.

2. सहाय्यक संचालक, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं (Assistant Director, by Transfer on Deputation) …..2 पदां (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: टप्पो -7

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: राज्य सरकार / भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम/ स्वायत्त संस्था/ म्हामंडळ /वैधानीक संस्थे अंतर्गत नेमान अधिकृत पद धारण करपी अधिकारी.

3. सहाय्यक अभियंतो, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं (Assistant Engineer, by Transfer on Deputation) ….. 3 पदां (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: टप्पो -7

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: 1.राज्य सरकार / भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम/ स्वायत्त संस्था/ म्हामंडळ /वैधानीक संस्थे अंतर्गत नेमान अधिकृत पद धारण करपी अधिकारी.

2. राज्य सरकार / भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम/ स्वायत्त संस्था/ म्हामंडळ /वैधानीक संस्थे अंतर्गत वेतन मॅट्रीक्स टप्पो 6 त पांच वर्सां नेमान सेवेंत आशिल्ले, प्रत्यक्ष भरती खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आसूंक जाय ती म्हणल्यार

मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची नागरी अभियांत्रिकी (पर्यावरण अभियांत्रिकी/ प्रदुशण नियंत्रण हो एक विशय) हातूंत पदवी प्राप्त केल्ली आसूंक जाय.

4. पर्यावरण अधिकारी, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं (Environmental Officer, by Transfer on Deputation) …..1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: टप्पो -7

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: राज्य सरकार / भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम/ स्वायत्त संस्था/ म्हामंडळ /वैधानीक संस्थे अंतर्गत नेमान अधिकृत पद धारण करपी अधिकारी.

5.उपसंचालक (तंत्रीक), प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं Dy. Director (Technical), by Transfer on Deputation …..1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: टप्पो -10

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: राज्य सरकार / भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम/ स्वायत्त संस्था/ म्हामंडळ /वैधानीक संस्थे अंतर्गत नेमान अधिकृत पद धारण करपी अधिकारी.

## II.भौशीक भलायकी खातें

A.गोंय दंत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल (GOA DENTAL COLLEGE AND HOSPITAL)

व्याख्यातो:

A. पॅडोडोण्टीक्स (Pedodontics) ….. 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)

B. ओर्थोडोण्टीक्स (Orthodontics) …..1 पद (अनारक्षीत)

C. समुदाय दंतवैजकी/ भौशीक भलायकी दंतवैजकी (Community Dentistry / Public Health Dentistry) …. 3 पदां (1- अनारक्षीत ,1- हेर मागास वर्गियां खातीर, 1- अनुसुचीत जमाती)

वेतन श्रेणी: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक- (i) दांत चिकित्सा कायदो 1948 चे (1948 चो 16 ) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii) दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– i) पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग / दांत संस्था आसा,

हातूंत निबंधक / ट्युटर / वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीचे संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव. iii) मराठीचें गिन्यान.

B. <u>मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था (Institute of Psychiatry and Human Behavior)</u>

1.मानसोपचारतज्ञ (Psychiatrist) .... 4 पदां (3- अनारक्षीत, 1 हेर मागास वर्गियां खातीर)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो -10 प्रमाणें **पिराय** - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकीय कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii)भारताच्या वैजकी मंडळान मान्यताय दिल्ल्या प्रमाण मानसोपचारांत पदव्युत्तर पदवी/ पदविका वा तत्सम. (iii) कनिश्ट निवासी म्हणून संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो दोन वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :–मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**2. क्लिनिकल मानसशास्त्रज्ञ** (Clinical Psychologist) ..... 2 **पदां** (1- **अन-आरक्षीत**, 1- **हेर मागास वर्गियां खातीर**)

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो- 11 प्रमाणें **पिराय**- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक** : (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान मानसशास्त्रांत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान /संस्थेंतल्यान तत्वज्ञानांत पदव्युत्तर पदवी (क्लिनिकल मानसशास्त्र) वा वैजकीय आनी समाज मानसशास्त्रांत पदविका (दोन वर्सांचो पाठ्यक्रम) वा तत्सम. (iii) मानसशास्त्र वा क्लिनिकल मानसशास्त्र वा वैजकीय आनी समाज मानसशास्त्रांत मानसीक चांचणी आनी समुपदेशन क्षेत्रांत दोन वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**:– (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान संबंदीत क्षेत्रांत डॉक्टरेट पदवी वा तत्सम. (iii) मराठीचें गिन्यान.

## III. शार आनी नगर नियोजन खातें

उप शार नियोजक (Dy. Town Planner) …… 2 पदां (अन- आरक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** टप्पो -10 पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान/संस्थेंतल्यान प्रांतीय/नगर नियोजन पदवी वा तत्सम. (ii) नियोजन वा वास्तुशिल्पशास्त्र कार्यालयांत काम केल्ल्याचो, 2 वर्सांचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**टीप 1**: उमेदवार उच्च गुणवत्ता प्राप्त आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाच्या स्वेच्छाधिकारान पात्रताय सदळ करूंक शकता.

**टीप 2**: अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातीच्या उमेदवारांचे बाबतींत जरी नेमणुकेच्या खंयच्याय स्तराचेर आरक्षीत आशिल्लीं पदां भरूंक जाय आशिल्लो अणभव आशिल्ले उमेदवार आरक्षीत समुदायेंतल्यान मेळचे नात अशें मत गोंय लोक सेवा आयोगाचें आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाच्या स्वेच्छाधिकारान अणभवा संदर्भांतली पात्रताय सदळ करूंक शकता.

**ऐच्छिक** – (i) नगर नियोजकांचे (भारत) संस्थेचे सहकारीपद वा वेवसायीक संस्थेचें तत्सम वांगडीपद. (ii) विकास आराखडो तयार करपाचो अणभव. (iii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## IV. कार्मीक खातें

गट विकास अधिकारी (Block Development Officer) ....... 3 पदां (2- अन- आरक्षीत, 1- हेर मागास वर्गियां खातीर)

**वेतन श्रेणीः** मॅट्रिक्स टप्पो - 7 प्रमाणें पिरायः 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :**

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम खंयचेय शाखेंतल्यान पदवी. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम समाजशास्त्र /समाज कार्य हातूंत पदवी ii) मराठीचें गिन्यान.